Panaji National 7th August 2026 8.40am

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी देशांतल्या लोकांक आज राष्ट्रीय हातमाग दीस उत्साहान आनी उमेदीन मनोवपाचें आवाहन केलां.
- केंद्रीय मंत्रीमंडळान नितळ उर्जा आनी गांवगिऱ्या अर्थवेवस्थेक चालना दिवपा खातीर  गोबरधन येवजणेक मान्यताय दिली.
- भारतान काल ओडिशांत मध्यम पल्ल्याच्या अग्नि-4 बॅलिस्टिक क्षेपणास्त्राची येसस्वी चांचणी केली.
- बॅडमिंटनांत, भारताची तन्वी शर्मा आयज कोरिया मास्टर्सांत महिला एकोडी गटाच्या क्वार्टरफाइनलीत आपल्याच देशाच्या रक्षिता रामराजा आड खेळटली.

PM –

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी देशांतल्या लोकांक आज राष्ट्रीय हातमाग दीस उत्साहान आनी उमेदीन मनोवपाचें आवाहन केलां. एका विडिओ संदेशात प्रधानमंत्र्यांनी म्हळें, भारताच्या स्वातंत्र्यलढ्याचो एक भाग म्हूण ७ ऑगस्ट १९०५ दिसा स्वदेशी चळवळ सुरू जाली आनी समाजांतल्या सगळ्या वर्गांतले लोक एकठांय येवन ब्रिटीश सत्तेआड इतिहासीक लडो लडले.  ‘आत्मनिर्भर भारत’ उबारपा खातीर ल्हान आनी अर्थीक नदरेन दुबळ्या विणकार कुटुंबांक सशक्त करपाचें म्हत्व प्रधानमंत्र्यानि उक्तायलें. Byte

1905 वर्सा ह्याच दिसा सुरू जाल्ल्या स्वदेशी चळवळीचो उगडास करपा खातीर दर वर्सा 7 ऑगस्टाक राष्ट्रीय हातमाग दीस मनयतात.

Handloom –

वस्त्रोद्योग मंत्रालय आयज बाराvya राष्ट्रीय हातमाग दीसा निमतान राष्ट्रपती भवन सांस्कृतीक केंद्रांत राष्ट्रीय कार्यावळ घडोवन हाडटले. या कार्यक्रमाक राष्ट्रपती

द्रौपदी मुर्मू मुखेल सोयऱ्यो म्हणून उपस्थित रावतल्यो, केंद्रीय वस्त्रोद्योग मंत्री गिरिराज सिंह आणि राज्यमंत्री पवित्र मार्गेरिटा हे कार्यावळींक हाजीर आसतले. भारताच्या गिरेस्त हातमाग दायजाचो उत्सव मनवप आनी देशाच्या सांस्कृतीक आनी अर्थीक उदरगतींत हातमाग विणपी समुदायाच्या योगदानाक मान्यताय दिवप हो ह्या कार्यावळीचो हेतू आसा अशें वस्त्रोद्योग मंत्रालयान सांगलें.

Gobardhan –

केंद्रीय मंत्रीमंडळान नितळ उर्जा आनी गांवगिऱ्या अर्थवेवस्थेक चालना दिवपा खातीर वट्ट 23 हजार 731 कोटी रुपयांच्या तरतुदी संयत राष्ट्रीय चक्रीय जैवउर्जा येवजण, गोबरधनाक मान्यताय दिली. नवी दिल्लींत प्रसार माध्यमांक म्हायती दितना म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगलें, ही येवजण 2026-27 ते 2035-36 ह्या काला वधित राबयतले आनी आनी भारताच्या फुडाराच्या उर्जा मिश्रणाचो एक मुखेल स्तंभ म्हणून कॉम्प्रेस्ड बायोगॅस प्रस्थापित करतले.

केंद्रीय मंत्रिमंडळान 'गोबरधन' येवजनेक मंजुरी दिल्या उपरांत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी सोशल मिडिया पोस्टांत सांगलें, हो निर्णय नितळ उर्जा, गांवगिऱ्या वाठारांतली समृद्धी आनी आत्मनिर्भर राष्ट्र' जावपाचें देशाचे सामुहीक सपन साकार करपाच्या दिकेन एक म्हत्वाचें पावल आसा.

Sitharaman –

संसदेन विनियोग (क्रमांक 3) विधेयक, 2026 संमत केलें. चर्चे उपरांत राज्यसभेन हें विधेयक लोकसभेकडे परत धाडले. लोकसभेने ते पयलींच संमत केल्ले. 2023 वित्तीय वर्सा जाल्ल्या अतिरिक्त खर्चा खातीर सरकारान मान्यताय मागल्या अशें अर्थमंत्री निर्मला सीतारामन हांणी सांगलें. जम्मू-काश्मीरा संबंदी वांगड्यांनी उक्तायिल्ल्या हुस्क्याचो उल्लेख करतना अर्थमंत्र्यांनी सभाघराक आश्वासन दिलें की 2019 वर्सा कलम 370 रद्द जाले उपरांत सरकारान जम्मू-काश्मीर या केंद्रशासित प्रदेशाक फावो तो अर्थीक आनी प्रशासकीय आदार दिला. Byte

Joshi –

प्रधानमंत्री सूर्य घर मुफ्त बिजली येवजणेचो लाव भारतांतल्या लाव 50 लाखां परस चड कुटुंबांक पावलां अशें केंद्रीय नवि आनी नवीनीकरणीय उर्जा मंत्री प्रल्हाद जोशीन सांगलें. मंत्री नवी दिल्लींत सीआयआय आंतरराश्ट्रीय ऊर्जा परिषद आनी प्रदर्शनात उलयताले. Byte

Agni –

भारतान काल ओडिशांतल्या चांदीपूर हांगाच्या इंटिग्रेटेड टेस्ट रेंजांतल्यान मध्यम पल्ल्याच्या अग्नि-4 बॅलिस्टिक क्षेपणास्त्राची येसस्वी चांचणी केली. हे चांचणेंतल्यान क्षेपणास्त्राचे सगळे कार्यकारी आनी तंत्रीक मापदंदाची पुष्टी जालल्याचे संरक्षण मंत्रालयान सांगलें. स्ट्रॅटेजिक फोर्सेस कमांडच्या फुडारपणाखाला ही चांचणी जाली.

हे यशस्वी अभियाना खातीर संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंगान स्ट्रॅटेजी फोर्स कमांड आनी DRDO हांचें अभिनंदन केलें.

Goa –

गोंय विधानसभेत अनुसूचीत जमातींक आरक्षण दिवपी गोंंय विधानसभा अनुसूचीत जमाती (एसटी) प्रतिनिधीत्व कायदो 2025ची अधिसूचाेवणी जारी जाल्या. 6 ऑगस्ट 2026 सावन हो कायदो लागू जाल्ल्याचे हातूत स्पश्ट केलां. हाका लागून गोंय विधानसभेत एसटीं खातीर मतदारसंंघ आरक्षीत करप आता शक्य जातलें.

आस्वासना प्रमाण केंद्र सरकारान एसटी आरक्षण कायद्याची अधिसूचोवणी जारी केल्या. हे अधिसूचोवणेक येवकार दितना हांव प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी गृहमंत्री अमित शहा हांचे उपकार मानता, अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.

हे विधेयक  गेले वर्सा संसदेत संमत जालें. संसदेत विधेयक संमत जाल्या उपरांत राष्ट्रपतींनी लेगीत ताका मान्यताय दिल्ल्यान ताचे कायद्यात रूपांतरण जाल्ले. आता अधिसूचोवणी जारी जाल्या.

ATF –

नागरी उड्डाण मंत्री के. राममोहन नायडू हाणी, सरकार विमानन टर्बाइन इंधनांत (एटीएफ) इथेनॉल मिसळपाची येवजन आखत आशिल्ल्याचे दावे भायर मारल्या. असलो कसलोच प्रस्ताव नाशिल्ल्याचे तांणी स्पष्ट केले. इथेनॉल आणि Sustainable एव्हिएशन फ्युएल हें पुरायपणान वेगळें आसून तें एकच मानचे न्हय अशे तांणी म्हळां.

IMD –

भारतीय हवामान खात्यान (IMD) आयज मध्य प्रदेश, राजस्थान, केरळ, माहे, ओडिशा आनी दर्यादेगेवेल्या आनी दक्षिण भितरल्या कर्नाटकांत गडगड, वादळी वारें आनी जोगला मारपा वांगडाच उटंगराचो अदमास उक्तायला. अंदमान निकोबार जुंवे, झारखंड, लक्षद्वीप, अस्तंत  बंगाल  मध्य  महाराष्ट्र, तमिळनाडू, पुडुचेरी, कराईकल, उत्तराखंड हया वाठारांनी आयज गडगड आनी वीज पडपा वांगडा पावस पडपाचो अदमास आसा.

Maha monsoon –

पुराय महाराष्ट्रांत पडिल्ल्या उटंगराच्या  पावसाक लागून जलाशयांतल्या उदकाचो सांठो खूब वाडला. उदका संसाधन खात्याच्या निमाण्या अहवाला प्रमाण राज्यांतले 3,029 मुखेल, मध्यम आनी ल्हान जलाशय सध्या तांच्या सक्रिय साठवण क्षमतेच्या 70.57 टक्क्यां मेरेन भरल्यात.

Badminton –

बॅडमिंटनांत, भारताची तन्वी शर्मा आयज आसनात कोरिया मास्टर्सांत महिला एकोडी गटाच्या क्वार्टरफाइनलीत आपल्याच देशाच्या रक्षिता रामराजा आड

खेळटली. तन्वीन प्री-क्वार्टरफाइनलीत भारताचेच श्रीयांशी वलीशेट्टीत हारोवन क्वार्टरफाइनलीत सुवात मेळयली, जाल्यार रक्षितान जपानाच्या मनामी सुइजूक हारोवन क्वार्टरफाइनलीत प्रवेश केला.

मजगतीं, बायलांच्या सिंगल्साच्या क्वार्टरफाइनलीत अव्वल मानांकीत जपानची हिना अकेची आड अश्मिता चालिहा खेळतली. दक्षिण कोरियाच्या किम मिन-जीचेर घसघशीत जैत मेळोवन अश्मितान निमाण्या आठांत प्रवेश केलो. दादल्यांच्या डबल्स क्वार्टर फायनलींत, भारतीय जोडी पृथ्वी कृष्णमूर्ति रॉय आनी कृष्णा प्रसाद गरागा सेमीफायनलींत सुवात मेळोवपा खातीर मलेशियन जोडी मान वेई चोंग आनी सोह वूई यिक हांच्या आड खेळटली.